पेडणेचे आमदार प्रविण आर्लेकार हांणी पेडणेच्या रेंदरांक माड पाडपाखातीर माडार चडपाक लागपी मशिन दिले. रेंदेर आपल्या जीवाक धोको पत्कारून माड पाडपाचे काम करता, तांचे काम ह्या अत्याधुनिक मशिनाच्य उपेगात सोपे करपाच्य हेतान आपणी ही मशिना वाटल्यात अशी म्हायती ह्यावेळार आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी दिल्या. शेतकी खात्यान रेदेंराखातीर विमो येवजण चालीक लायल्या. रेदेंराचे काम करपी नागरीकांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे आवाहन तांणी केला. हे शिवाय रेदेराच्य भुरग्यांनी बरे उच्च शिक्षित जांवन आपल्या आवय बापायचे नांव वयर काडचे अशे आर्लेकार हंणी म्हणला.**Byte- pravin arlekar**इतलेमजगती आमच्या कामाक हातभार लायिल्लयाखातीर आम्ही आमदाराचे उपकारी आसात अशी प्रतिक्रिया थळाव्या रेंदेरांनी दिल्या.जाल्यार नाल्लाची म्हारगाय आता तेंगशी गाठीत आसा. बारीक नाल्ल- 30 -35 रुपया, मध्याम 40-45 जाल्यार मोठो नाल 50- आनी 60 रुपया जाला .ताका लागुन नालाच्या म्हारगायेचेर नियंत्रण हाडचे म्हण राज्यभरातल्या लोकांकडल्यान मागणी जाता.

मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या दोना पावलच्या घराचेर मोर्चो व्हेल्ल्या प्रकरणांत पणजी पुलिसांनी विरोधी फुडारी युरी आलेमांव, आमदार कार्लोस फेरेरा, वेन्झी व्हिएगस, क्रूझ सिल्वा, आरजीपी अध्यक्ष मनोज परब हांचे सयत 1200 ते 1500 लोकां आड एफआयआर दाखल केला. हातूंत बेकायदेशीर आंदोलन करप, मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या घराचेर चलून वचप, रस्तो आडावप अशीं कारणां दिल्यांत.फाटल्या शेनवारा आमदार विरेश बोरकार हांणी सांत आंद्रे मतदारसंघांत कलम 39 अ खाला प्रस्तावीत झोन बदल रद्द करपाची मागणी केल्ली. तांणी पाळे शिरदोनच्या थळाव्यां वांगडा खात्याच्या पाटो वयल्या कार्यालयांत थंयच बसून आंदोलन केलें. उपरांत बोरकार हांणी आपली मागणी पुराय जायसर आमरण उपोशण करपाचो निर्णय घेतलो. ताका काँग्रेस आनी आप आमदारांनी तेंको दिलो.ते प्रमाण सोमारा 23 फेब्रुवारीक नगर नियोजन कायद्यांतलो कलम 39 अ रद्द करपाची मागणी करपा खातीर आझाद मैदान ते राणे हांच्या घरा मेरेन मोर्चो काडलो. आंदोलक कितलीशीच वरां राणे हांच्या निवासस्थाना मुखार बसून रावले. आंदोलनांत वांटो घेवप्यां आड कारवाय करतले अशीय शिटकावणी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिल्ली.

भारतीय लश्कर भरती नोंदणी प्रक्रिया १३ फेब्रुवारी सावन सुरू जाल्या आनी ती ११ एप्रील मेरेन चालू उरतली. ही भरती लश्कराच्या खाला अग्निवीर जनरल ड्यूटी, अग्निवीर तंत्रीक, अग्निवीर क्लर्क/स्टोरकीपर तंत्रीक अग्निवीर वेपारी (8 वी आनी 10 वी पास) ह्या पदां खातीर जातली. इत्सूक उमेदवारांनी दिल्ल्या काळा भितर www.joinindianarmy.nic.in ह्या संकेतथळार ऑनलायन अर्ज करूं येता

सध्या कला अकादमीत सुरु आशिल्लया वेगेवगळ्या कोर्सावरवी 600 शिक्षण घेतात अशें कावळेकार हांणी मेळाव्यांक मार्गदर्शन करतना सांगलें. तशेंच आदीं बंद केल्ले उपक्रम बेगीनूच परतून सुरू करतले अशी कला अकादमीचे अध्यक्ष म्हण चंद्रकांत कवळेकार हांणी दिल्या.आयज कला अकादेमीच्या स्थापणूक दीसाची कार्यावळ जाली. त्यावेळार कला अकादमीचे अध्यक्ष म्हण चंद्रकांत कवळेकार मुखेल सोयरे ह्य नात्यान उलयताले.कला अकादमीचो दर्जो भारतभर ज्ञात आसा. कला अकादमीवरवी कालाकारांची उदरगत तशेचं गोंयात कले खातीर काम करपाची मोख सरकारान दवरला अशे कवळेकार हांणी म्हणला.ह्यावेळार कला अकादमीचे विद्यार्थी, कर्मचारी, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. Byte- kavlekar

28 फेब्रुवारी ते 1 मार्च मेरेन कला अकादमींत 42 वो सुरश्री केसरबाई केरकार संगीत महोत्सव चालू आसा. आयज सांजवेळा 5 वरांचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जाले .थळाव्या आनी देशभरांतले नामनेचे कलाकार ह्या महोत्सवांत शास्त्रीय संगीत आनी नाच सादर करतले अशें कला अकादेमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार हांणी सांगलें. पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. कांयकारणांक लागून फाटलीं तीन वर्सा हो महोत्सव घडोवन हाडूंक नाशिल्ल्याचें कवळेकार हांणी सांगलें. ह्यावर्सा हो महोत्सव घडोवन हाडपाचें थारायलां. उक्तावण सुवाळ्या उपरांत गोंयच्यो पल्लवी पाटील शास्त्रीय गायन सादर करतल्यो . हाचे उपरांत सांजवेळा 6.30 वरांचेर मुंबयचे भाग्येश मराठे हाणीगायन सादर केले. 1 मार्चाक गोंयच्यो शकुंतला भरणे सकाळीं 10.30 वरांचेर गायन सादर करतल्यो . रातच्या 11.45 वरांचेरछत्तीसगडांतल्यान आर्या नांदे ओडिसी नाच सादर करतल्यो .1 मार्चाक सांजवेळा 4.30 वरांचेर किशोर तेली

आनी बुड्डेश तालकर हांचे मदली जुगलबंदी पळोवपाची संद मेळटली. सांजवेळा 5.45 वरांचेर दिल्लींतल्यान मीता पंडित शास्त्रीय गायन सादर करतली. सांजवेळा 7.30 वरांचेर रघुनंदन पणशीकार गायतले. रोहिदासपरब, अमर मोपकार, शैलेश गांवकार, मयंक बेडेकर, उदय कुलकर्णी, सुभाष फातर्पेकार, दत्तराज सुर्लीकार, दत्तराज म्हाळशी, वसंत गांवकार आनी वसीम खान ह्या महोत्सवाक साथ दितले अशें कवळेकार हांणी सांगलें.

गोंय सरकाराच्या कृशी संचालनालयान आयतार 1 मार्च 2026 दिसा नारायणदेव देवस्थान, सुर्ला हांगा कृशी मेळावो आनी शेतकार गौरव सुवाळो आयोजीत केला. सकाळी 10.00 वराचेर सुरू जावपी कृशी मेळाव्याच्या कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले. ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं सामुदायिक शेती प्रकल्पांचे उक्तावण जातले तशेंच शेतकारांक पुरस्कार भेटयतले. ह्या मेळाव्यात मुख्यमंत्री श्री नारायण देव शेतकरी संघटना, सुर्ला, माऊली शेतकरी संघटना, मेणकुरे, कांतोर खाजन शेतकरी संघटना, आमोणा आनी कोले खाजन शेतकरी संघटना, कुडणे ह्या शेतकरी संघटनांच्या शेती लागवड प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले. कृशी

संचालनालयाचे संचालक संदीप फळदेसाय आनी विभागीय कृशी अधिकारी यशवंत गावस शेतकारांक संचालनालयावतीन शेतकारांच्या फायद्याखातीर अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची म्हायती दितले आनी शेत लागवडीविशीं मार्गदर्शन करतले.

गोवा राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान (GSCERT) गोंय मुख्याध्यापक संघटनेच्या सहकारान, लोकभवन, दोना पौला हांगा एक दीसाचो  राष्ट्रीय परिसंवाद घडोवन हाडलो. संस्थांचें फुडारपण घटमूट करपाच्या आनी राज्यांतल्या शाळेच्या शिक्षणाचो एकंदर दर्जो वाडोवपाच्या हेतान   हो परिसंवाद आयोजीत केल्लो.शालानचें फुडारपण: शिक्षणीक भूंयवर्णनांत बदल करपाचो एक मार्ग" ह्या विशयाचेर परिसंवाद जालो. ह्या काऱ्यक्रमांत शिक्षण तज्ञ, शाळा मुखेली, शिक्षक, आनी मुखेल भागधारकांक एकठांय हाडून सहकार फुडारपणा वरवीं शाळेचें शिक्षण घटमूट करपाचेर विचार केलो. अभ्यासक्रमांत सुदारणा, संस्थांनी फुडारपणाची पद्दत, वेवस्था पातळेचेर सहकार, आनी राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 ची गोंयच्या संदर्भांत प्रभावीपणान चालीक लावपाचेर चर्चा जाली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात

चड तापमान३३.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २0.2

औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

साखळीच्या इगल स्पोर्ट्स क्लबान आयोजित केलल्या इगल प्रेमिएर लीग ट२० LEATHERBALL क्रिकेट सर्तींत आरव 11 अनि सुरला सुपर किंग्स पांगड जैतीवंत जाले.